नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :02 /12/2025

प्रादेशिक खबरो

7.25 am

जावडेकर /रश्मि

भारतीय जनता पक्ष जिल्हो पंचायत वेचंणुकेच्या उरलेल्या उमेदवारांची नावां आयज जाहिर करतले अशी म्हायती आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. जिल्हो पंचातीची वेचंणुक लढोवपी उत्तर आनी दक्षीण गोंयच्या 19 उमेदवारांची नांवा भाजपान आयतरा जाहिर केलली . जिल्हो पंचयात वेचंणुकेक उबे रावतना कशा पधद्तीन नेमाचे पालन करचे, वेचणुक लठयतनाची कशे तरहची रणनिती आखपाक जाय , हाचे विंशी उमेदवारांक काल पणजे भाजप मुख्यालयात मार्गदर्शन शिबीर आयोजित केल्ले ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोदसावंत उलताले Byte- cm
ह्यावेळार भाजप गोंय प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, तशेंच पक्षाचे हेर ज्येश्ठ फुडारी हाजीर आशिल्ले. हे फावट भाजपान जिल्हो पंचात वेंचणुकेत नव्या मुखामळांक संद दिल्यात. जाल्यार काय मतदारसंघांत अपक्ष उमेदवाराक तेको दितले. ह्या वेंचणुकेत मगो पक्षाचक तीन जागे दिवपाचो निर्णय घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानि दिल्या.

सर्तीत वाटो घेवन स्वतची कुशळटाय कळता, ताका लागुन तरणाट्यांखतीर सर्ती महत्वाच्यो. सर्तीच्या माध्मातल्यान कला गुणांक माची मेळटा, आनी तरणाट्याकं राश्ट्रीय पावंडयामेरेन वाटो घेवपाक मेळटा. विकसित भारत करतना तरणाटे महत्वाची भुमिका वठयतले. ताका लागुन तरणाटे ही उर्जेन भरील्ली देशाची महत्वाची शक्ती.22 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे उक्तावण आयज पणजे कला अकादमीच्य मास्टर द्नानाथा मंगेशकार सभाघरात जाले. त्यावेळार मंत्री रमेश तवडकार उलयताले.युवा जिद्दीन काम केले जाल्यार देशाच्या उदरगतीतक तो व्हडतो हातभार आसतलो अशे मंत्री तवडकार हांणी म्हणला.
ह्यावेळार खेळा खात्याचे सचिव संतोश सुखदेवा, खेळा आनी युवा संचालनालयाचे संचालक दोतोर अजय गावडे, उप संचालक विजय पवार, शिक्षक, विद्यार्थी, व्हडा आकड्यान हाजीर आशिल्ले.

युवा महोत्सव ही तरणाट्यांखातीर महत्वाची माची जांवन आसा, अशे मत ह्यावेळरा अजय गावडे हांणी म्हणला. विकसित भारत ह्या संक्लपनेचेर आधारीत 1-2 डिसेंबराक जावपी ह्या युवा महोत्सवात वेगवेगळ्या णव सर्तीचे आयोजन केला.

श्री देव विश्वेश्वर द्विदाशकपूर्ती महोत्सव समिती आनी संगमपुर शिवसमराज्य समिती हांचे जोडपालवाण सांगे वाठारात छत्रपती शिवाजी म्हाराजाचो 30 फुट काश्याचो पुतळो उबारपाक निधी एकठाय करपाच्य फाटंभुयेंर सांगे मतदारसंघात गोश्ट संयुक्त मानअपमानाची ह्या संगीत नाटकाचे आयोजन केला अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिल्या. हो पुतळो उबारपाक सुमार 1 कोटी रुपया खर्च येतलो असो अदमास आसा अशे तांणी म्हणला. फोंण्या 19 डिसेंबर सांजेच्या 7 वराचेर राजीव गांधी कला मंदिरात आनी 21 डिसेंबराक रवींद्र भवन मडगांवा हो नाट्य प्रयोग जातलो.

ह्या नाटकाचो प्रयोग गोंयांत पयलेच फावट जातलो. शिवप्रमी तशेचं संस्कृतीमोगयाणी ह्या नाटकाच्या माध्यमातल्यान छत्रपती शिवाजी म्हाराजाचो पुतळो उबा रपाक हातभार लावचो अशे आवाहन ह्यावेळार बेतकी विश्वेश्वर सेवा समितीचे वांगडी मंत्री गोविंद भगत हांणी केला.

गोंयांत National talent hunt ह्या सर्तीचे कॉंग्रेस पक्षान आयोजन केला. गोंयच्या काळाजाचो आवाड ह्या संकल्पनेचेंर आधारीत गोंयांत ही सर्त जातली अशी म्हायती कॉंग्रेस पक्षाची राश्ट्रीय सोशल मिडीया प्रमुख आनी प्रवक्ता सुप्रिया श्रीनेत हीणे सांगला. ऑनलायन पध्दतीन हया सर्तीत वाटो घेवपाक अर्ज सादर करचे पडटले. ह्या सर्तीत खतिर अर्ज करपाची निमणी तारीख 9 डिसेंबर आसा .ह्या सर्तीचे देशातल्या वेगवेगळ्या राज्यात आयोजन केला. बेरोजगारी, गुन्ह्याव तशेचं हेर वेगेवगळ्या विशयाचेंर सत्यपरीस्थितीचेर भाश्य करप असो ह्या सर्तीचो उद्देश आसा.

स्पोर्ट्स

चिलींतल्या सांतिआगो शारांत जल्या बायलांच्या एफआयएच हॉकी ज्युनियर वर्ल्ड कप सारतीत रतान आयज नामिबियाचेर १३आड -० अशे जैत जोडले

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आमचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले आयज सांजे  सात जावण 20  मिंनटाचेर नमस्कार